# पावसाळ्यात लोकांनी वीज यंत्रणां पासून सादूर रावपाचो वीज खात्याचो सल्लो

ता. 15 जुलय 2020

पावसाच्या दिसांनी लोकांनी आनी वीज गिरायकांनी खंयच्याय वीज यंत्रणांलागी वचपाचे टाळचे. तशेंच भुरग्यांक अशी वीज यंत्रणां, वीज खांबे, ट्रान्सफॉर्मर, आरएमयु, वितरण यंत्रणां, वीज केबल आनी हेर वीज यंत्रणांलागी खेळपाक दिवचे न्हय.

गिरायकांनी आपल्या घरांतली वीज यंत्रणां आनी वायरींग परवानाधारक वीज कंत्राटदाराकडल्यान तपासून घेवचे. मिटर बॉक्सात उदक गेल्ले आसत जाल्यार मुखेल स्विच बंद करचो. दुरूस्ती केल्या उपरांतच बटन चालू करचो.

लायटीच्या सरयांक हुक घालून वीज चोरी करची न्हय. वीज केबल/सरयों जमनीर हुमकळटात आसत जाल्यार, सरयों वा खांबो जमनीर पडिल्लो आसत जाल्यार 1912 ह्या टॉल-फ्री नंबरा वयल्यान वा 0832-2458304 आनी 0832-2490800 ह्या लॅण्डलायन फोन नंबरावयल्या वीज खात्याक कळोवचे.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/390

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA